# भगवान बिरसा मुंडा जयंती कार्यक्रम

ता. 14 नोव्हेंबर 2024

आदिवासी फुडारी भगवान बिरसा मुंडा हांची फाल्या 150 वी जयंती. देशांत दर वर्सा तांची जयंती जनजातीय गौरव दीस म्हूण मनोवपात येता. केंद्रीय आदिवासी वेव्हार मंत्रालयान 15 नोव्हेंबर 2024 ते 26 नोव्हेंबर 2025 मेरेन जनजातीय गौरव वर्स मनोवपाचो निर्णय घेतला. भगवान बिरसा मुंडा हांच्या 150 व्या जयंती निमतान झमुई बिहार हांगा आयोजीत कार्यक्रमात प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी जनतेक संबोधीत करतले.

गोंय सरकारान लेगीत भगवान बिरसा मुंडा हांची 150 वी जयंती राज्य पांवड्याचेर मनोवपाचो निर्णय घेतला आनी त्या निमतान राज्यांत विविध सुवातांचेर तरेकवार कार्यावळी आयोजीत केल्यात. भगवान बिरसा मुंडा हांची 150 वी जयंती मनोवपा खातीर मुख्यमंत्री आनी आदिवासी कल्याण मंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतेखाला सुकाणू समितीचे गठण केला. केंद्रीय आदिवासी वेव्हार मंत्रालयान नवीन सुरू केल्ल्या 'धरती आबा जनजातीय ग्राम उत्कर्ष अभियान' हे येवजणेविशी जागृताय करपा खातीर दोनीय जिल्ह्यांनी कार्यावळी जातल्यो.

राज्य पांवड्यावयल्या भगवान बिरसा मुंडा 150 व्या जयंती कार्यावळीचे उक्तावण आनी 'धरती आबा जनजातीय ग्राम उत्कर्ष अभियान' येवजण जागृताय मोहिमेचो शुभारंभ साखळेच्या रवींद्र भवनात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं जातले.

पत्रादेवी पेडणेच्या हुतात्मा स्मारका कडल्यान बिरसा मुंडा गौरव यात्रेक सुरवात जातली. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, सभापती श्री. रमेश तवडकर, आमदार श्री. आंतोन वाज आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार उपस्थित आसतले.

तशेंच उपजिल्हाधिकारी कार्यालय, धारबांदोडा, रवींद्र भवन काणकोण आनी कुर्डी-सांगे नगरपालिका सभाघरात सरकारच्या तरेकवार येवजणांविशी जागृताय, नव मतदार नोंदणी, आधार नोंदणी, अशें कार्यक्रम जातले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/639

--
------------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.